PANAJI NATIONA NEWS

12 JUNE 2026,6.30PM

प्रधानमंत्री 100

अर्थीक समावेश आनी उद्देजकते सावन शिक्षण, भलायकी, नितळसाण, घर, खेळ, विज्ञान, आनी शासन हांचे मेरेन विंगड विंगड वाठारानी बायलांचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें मत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज उक्तायलें.ड्रोन तंत्रगिन्याना सारक्या उदरगतशील मळार बायलांचो वाडत आशिल्लो सहभाग संद मेळपाचे नवे मार्ग उक्ते करपाक लागला आनी देश भरांतल्या उदरगतीच्या मळार बदल घडोवन हाडटा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हटला.फाटल्या 12 वर्सांत एनडीए सरकारान बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगत फुडें व्हरपा खातीर वावर केला आनी हें क्षेत्रां मदीं दिसता अशें तांणी नदरेक हाडलें. बायलांक अर्थीक नदरेन स्वतंत्र जावपाक मजत करपी सेल्फ हेल्प गटांक सरकार सक्रीयपणान आदार दिता अशें तांणी सांगलें.

केंद्रीय घरमंत्री 110

अमरनाथ यात्रेक वाचपी भक्तांक उंचेल्या पांवड्यावेली सुरक्षा आनी सुगम यात्रेचो अणभव सुनिश्चीत करपा खातीर सरकार पुरायपणान कटिबद्ध आसा अशें केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह हाणी सांगलां. श्री अमरनाथ यात्राचे तयारेचो नियाळ घेवपा खातीर नवी दिल्लींत जाल्ले उच्च पांवड्यावेले बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटना श्री शाहा हाणी अशें सांगलें. हे बसकेंत केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळ, जम्मू-काश्मीर पुलीस, आनी सगळ्या सुरक्षा एजन्सीच्या समन्वयात्मक यत्नांक लागून यात्रेच्या मार्गाचेर सुरक्षा कडक करपाचो निर्देश तांणी दिलो. ड्रोन, सीसीटीव्ही पळोवणी आनी प्रगत निरिक्षण प्रणाली अशा आधुनीक तंत्रगिन्यानाचो व्हड प्रमाणांत वापर करून सुरक्षा चौकटी आनीक घटमूट करपाचेर तानी भर दिलो. वेगवेगळ्या सी ए पी एफ चे वरिश्ठ अधिकारी

आनी जम्मू-काश्मीर पुलीस पुराय यात्रे मार्गांत शिबिर स्थळांचेर वेवस्थेचेर सतत नदर दवरतले अशें श्री शाहा हाणी  सांगलें.

भारत-बांगलादेश 90

भारत-बांगलादेश शिमेचेर शांतताय, सुशेग आनी स्थिरताय तिगोवन दवरपा खातीर भारत आनी बांगलादेशान आपली वचनबद्धताय परतून उक्तायल्या. शिमेची सुरक्षा दळ आनी शिमे रक्षक बांगलादेश हांचे मदीं 57 वी महासंचालक पातळेचेर शिमे समन्वय परिशद 8 ते 11 जून मेरेन नवी दिल्लींतल्या बीएसएफ मुख्यालयांत जाली. शिमेचे परिस्थितीचो नियाळ घेवपाक आनी शिमेची सुरक्षा आनी शिमे वेवस्थापन संबंदीत परस्पर प्रस्नांचेर भासाभास  करपाक परिशदेंत म्हत्वाचो मंच मेळ्ळो. परिशदे वेळार समन्वयीत गस्त आनीक घटमूट करप, जागृताय वाडोवप, रियल टाईम म्हायती वांटप सुदारप आनी शिमेभायर गुन्यांवकारी जाळये आड एकवटीत यत्न चड खर करप  गरजेचे अशें तांणी मान्य केलें.

ब्रिक्स कृशी 120

दोन दिसांच्या ब्रिक्स कृशी मंत्री परिशदेची सुरवात आयज मध्य प्रदेशांतल्या इंदौर शारांत जाली. केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सगळ्या प्रतिनिधींक येवकार दिलो आनी पुराय संवसार एक कुटुंब म्हल्यार  'वसुधैव कुतुंबकम' ही भावना मुखार व्हरपाचेर भर दिलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारताची  प्रश्न सुटावे  करपाची पद्दत झुजा परस शांतताय आनी संघर्शाचेर तश्येच  सहकार्याचेर उबारल्या अशें तांणी सांगलें.शेतकी मळार भारतान केल्या कामगिरी विशीं मंत्री उलयले . फाटल्या दशकांत ह्या वाठरांत सरासरी वर्सुकी वाड सुमार 4.5 टक्क्यांनी जाल्या अशें तांणी सांगलें. देशांतलें वट्ट अन्न उत्पादन सुमार 37.6 कोटी टन मेरेन वाडलां. भारतांतले सुमार 87 टक्के शेतकार ल्हान आनी

मध्यम शेतकार आसात, आनी तांकां सशक्त करप ही समावेशी उदरगतीची खरी चावी आसा हे तांणी नदरेक हाडलें.

खेळ

बॅडमिंटन सर्तींत भारताच्या पीव्ही सिंधून आयज सिडनी हागा सुरू आशील्ल्या ऑस्ट्रेलियन ओपन सर्तीच्या बायला एकेरीच्या उपांत्य फेरयेंत पावल घातले..

फिफा

फिफा विश्वचषक २०२६ सर्तींत वांगडी -यजमान कॅनडाचो सामनो आयज राती टोरोंटो स्टेडियमाचेर गट 'ब' च्या सामन्यात बोस्निया आणि हर्झेगोविन हानचे कडेन जातलो .हो खेळ भारतीय वेळेप्रमाण राती १२:३० वारांच्येर सुरू जातलो हो खेळ या दोन देशांमधलो विश्वचषकातलो पहिलोच खेळ आसा.

हवामान

भारतीय हवामान विभागान (आयएमडी) वायव्य भारतात फाल्यामेरेन पावसाचो नेट कायम उरपाचो अदमास काढला. सुसात्याचो वारो ,गडगड संयत पाऊस आणि गारो पडपाची शक्यता आसा.आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या दोन ते तीन दिसांत मान्सून पावस कर्नाटक, तेलंगणा, आंध्र प्रदेश, अस्तंत बंगाल, बिहार, छत्तीसगड, ओडिशा, झारखंड, उत्तर प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी आनीक फुडें वचपाक परिस्थिती अनुकूल आसा.